**गोंय शांतीकाय, सलोखो आनी सहिष्णुतायेचे राज्य- राज्यपाल**

ता. 29 मे 2022

गोंय हे शांतीकाय आनी सलोख्याचे राज्य जावन आसा. गोंयांत तरेकवार सांस्कृतीक वारसो आनी धार्मिक वातावरण आसून लेगीत राज्यांत शांतीकाय आनी सहिष्णुताय आसा. गोंय हे देशाच्या हेर वांठारांखातीर आदर्श जावन आसा. देशाच्या हेर वांठारांनी गोंयच्या ह्या आदर्श संस्कृतीचो खोलायेन अभ्यास करपाची गरज आसा, अशें गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज राजभवनार आयोजीत 35व्या गोंय घटक राज्य दीस सुवाळयात उलयताना सांगलें. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान ह्या सुवाळ्याचें आयोजन केल्ले.

राज्यपालान गोंयच्या राजकीय एकचार आनी अखंडतायेचीय तोखणाय केली. गोंयांत राजकीय मळार एकचाराचे वातावरण आसा. राजकीय फुडारी पक्ष भेदभाव कुशीक दवरून आदर्श कल्पना आनी तत्वांक येवकार दितात. गोंय राज्यान शिक्षण, साधनसुविधां, उद्देग, भलायकी आनी हेर मळार केल्ल्या उदरगातीचेर समाधान उक्तावन राज्यपालान गोंयांत अध्यात्मिक, ग्रामीण आनी भलायकी पर्यटनाक भरपूर वाव आशिल्ल्याचें म्हणलें, जे वरवीं रोजगाराच्यो संदीं निर्माण जावपा वांगडाच राज्याच्या अर्थवेवस्थेक हातभार लागतलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आपल्या भाशणात पुर्तूगेज सत्तेआड जाल्ल्या कुंकळ्ळीच्या बंडाच्या उगडासाक 15 जुलय हो दीस आदरांजली दीस म्हूण पाळपाचे जाहिर केले. तशेंच प्रत्येक वर्सा एक दीस नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय युध्द हुतात्मा स्मारकाक भेट दिवन हुतात्म्यांक आदरांजली ओपपात येतली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. गोंय राज्यान प्रत्येक मळार भरीव प्रगती केल्ल्याचें सांगून घटक राज्याच्या फाटल्या 35 वर्सांच्या काळांत सत्तेर आयिल्ल्या प्रत्येक सरकारान राज्याच्या उदरगतीक योगदान दिल्ल्याचें म्हणलें. राज्याच्या उदरगतीक योगदान दिल्ल्या सगळयां आदल्या मुख्यमंत्र्यांचें तांणी अभिनंदन केलें.

गोंय राज्याक खऱ्या अर्थान स्वयंपूर्ण करपा खातीर सरकारान मनीसबळ आनी संसाधन विकासाचेर भर दिल्लो आसा. तशेंच कोंकणी भाशेंच्या उदरगती खातीर खास यत्न करपात येतले,अशेंय तांणी सांगलें.

केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी गोंय राज्याच्या उदरगती खातीर सरकारान केल्ल्या प्रयत्नांची तोखणाय केली.

गोंयच्या उदरगतीक योगदान दिल्ले खातीर राज्यपाला हस्तुकीं आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त दयानंद बांदोडकर, सर्गेस्त श्रीमती शशिकला काकोडकर, सर्गेस्त लुईस प्रोत बार्बोझ, सर्गेस्त डॉ. विल्फ्रेड डिसौझा, सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांचो भौमान केलो. तांच्या घरच्यांनी भौमान स्विकारलो.

तशेंच आदले मुख्यमंत्री  श्री. चर्चील आलेमांव, श्री. प्रतापसिंह् राणे, श्री. रवी नाईक, श्री. लुईझीन फालेरो,  श्री. दिगंबर कामत हांचोय ह्या वेळार राज्यपाला हस्तुकीं भौमान केलो.

तशेंच राज्याच्या उदरगतीक  योगदान दिल्ले खातीर फोमेन्तो उद्देग समूह,  धेंपो उद्देग समूह, साळगांवकर उद्देग समूह, वेदांता उद्देग समूह, चौगुले उद्देग समूह, डी. बी. बादोडकर उद्देग समूह, आग्वादा रिसॉर्ट, आरएनबी उद्देग समूह, सिप्ला कंपनी, दै. गोमन्तक, जुवारी इंडस्ट्री, मणिपाल हॉस्पिटल, रॉटरी क्लब ऑफ गोवा आनी नामनेच्या शिक्षणीक संस्थांचो ह्या वेळार मानेस्तांच्या हस्तुकीं भौमान जालो. तशेंच स स्वयंपूर्ण मित्रांचोय ह्या वेळार भौमान जालो.

ह्या वेळार माचयेर गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर, येरादारी आनी शिश्टाचार मंत्री माविन गुदिन्हो, कृशीमंत्री रवी नाईक, उदकास्त्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकर, वीज मंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर, पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, नुस्तेमारीमंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर, समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक शिश्टाचार मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी येवकाराचे उलवप केले.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे सचीव श्री. रमेश वर्मा हांणी निमाणे उपकार मानले.

सुवाळ्याक  आमदार, उद्देजक आनी सरकारी अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

श्रीमती रूपा च्यारी आनी श्री. अनंत अग्नी हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/380

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji